<u>प्रादेशिक खबरो</u>

20.05.2026 7.20 PM

जुंता हावज, सरकारी क्वॉटर्स तशेंच पणजेतल्या हेर प्रकल्प इमारतींची उंचाय वाडोवपा खातीर मंत्रीमंडळान एफएआर वाडोवपाक मान्यताय दिल्या. अशी माहिती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली ऑल इंडिया ऑर्गनायझेशन ऑफ केमिस्ट्स अँड ड्रगिस्ट्स असोसिएशन, आनी केमिस्ट्स अँड ड्रगिस्ट्स असोसिएशन गोवा हांणी आयज फार्मसी संघटनेन पुकारील्ल्या राश्टव्यापी फार्मसी बंदाच्या फांभुयेर आयज राज्यातल्यो 500 मायज फार्मसी बंद आसात.

म्हायती आनी तंत्रज्ञान खात्यान फाल्या आनी परां म्हळ्यार २१ आनी २२ मे अशें दोन दिस 'गोवा शक्तेथॉन' सर्त आयोजीत केल्या गोंय आदीवासी कल्याण खाते आनी उटा संघटनेच्या जोडपालवान 25 मे क प्रेरणा दीसाची कार्यावळ कुंकळ्ळे जातली. अशी म्हायती आदीवासी कल्याण खात्याचे मंत्री रमेश तवडकार हांणी दील्या.

<u>GANESH/रश्मी 150</u>

जुंता हावज, सरकारी क्वॉटर्स तशेंच पणजेतल्या हेर प्रकल्प इमारतींची उंचाय वाडोवपा खातीर मंत्रीमंडळान एफएआर वाडोवपाक मान्यताय दिल्या. मंत्रीमंडळ बसके उपरांत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ही म्हायती दिली.

जुंता हावज इमारत मोडून ते सुवातेर नवी इमारत बांदपाच्या कामाची निविदा जारी जाल्या. जुंता हावज इमारतींत जी कार्यालयां आसात तांचे स्थलांतरण जातलें. तशेंच दुकानां आनी वेवसायीक आस्थापनांक लेगीत जागो खाली करपाक नोटिसो जारी जाल्यात.

मूख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी श्री श्री रविशंकर हांची बंगळुरात आयज आश्रमात भेट घेतली. तांचे मार्गदर्शन, अध्यात्म, मानवी मुल्यां आनी जागतीक समरसतायेचो संदेश संवसारभर लाखांनी लोकांक प्रेरणा दिता अशें ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा. श्री श्री रविशंकर हाचें प्रेरणादायक जिवीत, नदर आनी मानवतावादी वावर दाखोवपी एक बळिश्ट लघुपट “लव मूव्स द वर्ल्ड” हो एक आगळो उपक्रम इंट्यूशन प्रोसेसाचें उल्लेखनीय प्रदर्शन करपी एक लघुपट ह्या भेटी वेळार मुखेलमंत्र्यान पळयलो. ताण मुक्त जिण, समाजीक

रुपांतर, तरणाटे सशक्तीकरण, पर्यावरण संरक्षण आनी मानवतावादी सेवा हांचे खातीर आर्ट ऑफ लिव्हिंग फावंडेशनान राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार उपाट योगदान दिलां अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

<u>रश्मी 70</u>

ऑल इंडिया ऑर्गनायझेशन ऑफ केमिस्ट्स अँड ड्रगिस्ट्स असोसिएशन, आनी केमिस्ट्स अँड ड्रगिस्ट्स असोसिएशन गोवा (सीडीएजी) हांणी आयज फार्मसी संघटनेन पुकारील्ल्या राशटव्यापी फार्मसी बंदाक तेको दीला.हे फांभुयेर आयज राज्यातल्यो **500** मायज फार्मसी बंद आसात. मात हास्पीटलाच्यो फार्मसी उक्त्यो आसात. ई-पोर्टला वरवीं वखदांचो बेकायदेशीर विक्रीचो निशेध करपा खातीर बिरेस्तारा हो एक दीस बंद करपाचो निर्णय जाला. प्रिस्क्रिप्शन पडताळणी, वखदांचो ऑनलायन वेव्हार, साखळी वेवस्थापन आनी डिजिटल वखदां प्लाटफॉर्मांचो गैरवापर केल्ल्याचो आरोप करपा विशीं संघटणेन हुस्को उक्तायला.

<u>सुभाष 60</u>

म्हायती आनी तंत्रज्ञान खात्यान फाल्या आनी परां म्हळ्यार २१ आनी २२ मे अशें दोन दिस 'गोवा <u>शाक्केथॉन</u>' सर्त आयोजीत केल्या. नांवा प्रमाण ही कार्यावळ हाक्कथॉन आनी गोंयच्या बीच रॉक्स हांचो मेळ आसा, जंय दर्यादेगेर बसून नवे विचार आनी प्रस्नाच्यो जापो तयार जातल्यो. संवसारभरांतल्या खाशेल्या सुवातींनी अभिनव विचार जल्माक येतात हे संकल्पनेचेर आदारीत हो दोन दिसांचो अणभव प्रशासकीय कामांक नवो आकार दितलो अशे म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री रोहन खवंटे हांणी सांगलें.

<u>गणेश 70</u>

राज्यात दर वर्साप्रमाण अंदू **31**मेच्या मध्यरात्री सावन नुस्तेमारी बंदी लागू जातली. जून आनी जूलय हे दोन म्हयने ही बंदी आसतली, आनी नुस्तेमारी बंदीच्या कार्यवाये खातीर खर गस्त दवरपाची वेवस्था आसतली,.गोंय दरया नुस्तेमारी नियमन कायदो **1980**प्रमाण ही बंदी लागू जाता. नुस्तेमारी करपी लोक चड आनी बोटी चड आशिल्ल्यान कार्यवाय करप कठीण आसता. तरी लेगीत नुस्तेमारी बंदीच्या कार्यवाये खातीर गस्त दवरपाची सरकारान वेवस्था केल्या,

रश्मी 100

गोंय आदीवासी कल्याण खाते आनी उटा संघटनेच्या जोडपालवान 25 मे क प्रेरणा दीसाची कार्यावळ कुंकळ्ळे जातली. अंदुचे हे प्रेरणा दीसाचे हे 15 वर्स अशी म्हायती आदीवासी कल्याण खात्याचे मंत्री रमेश तवडकार हांणी. पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार दील्या.ह्या कार्यावळीवेळार दोतोर मधु घोडगेकार,कृशीतज्ञ शशिकांत गांवकार,समाजवावुरपी धाकु मडकयकार आनी **romaldo gonsalves** हांका प्रज्ञावंत पुरस्कार भेटयतले. हे शिवाय आदीवासी समाजाच्या कल्याणाखातीर 12 मुद्द्याचेर तयार केल्लो **vision document** ह्या कार्यावळीवेळार **launch** करतले. तशेच आदीवासी पाककलेवीशी बुक प्रदर्शित करतले. अटल आसरा येवजणेच्या लाभार्थ्यांक मंजुरी पत्रा,तशेंच 35 टक्के आदीवासी लोकसंख्या आशील्ल्या पंचायतीत सुविधा केंद्रा जंय बांधतले ताची वळेरीय जाहीर करतले.आनी रान हक्क कायद्याखाला सनद वाटपाची कार्यावळ जातली अशी म्हायती मंत्री तवडकार हांणी दील्या. **byte- Ramesh tawadkar**

रश्मी 250

केंद्रीय समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण राज्यमंत्री रामदास आठवले हांणी गोंयांतल्या दिव्यांजाना खातीर आनी अतिरिक्त वृद्धाश्रम आनी कल्याणकारी सुविधांक आदार दिवपाक केंद्र सरकार तयार आसा अशें सांगलां. सचिवालयांत पत्रकार परीशदेत उलयतना आठवले हांणी सांगलें की गोंय सरकाराच्या आदारान एनजीओन चलयल्लीं धा वृद्धाश्रमा बरी चलतात. केंद्राची वृद्धाश्रम येवजण गोंयांत आनीक दोन ते तीन सुविधांक आदार दिवंक शकता, दरेका जिल्हया खातीर एक सुविधा प्रस्तावीत केल्या अशें तांणी सांगलें. मंत्रीमंडळाच्या म्हणण्या प्रमाण दरेका युनिटांत 25 जाणांक रावपाक मेळटा आनी गरज पडल्यार ताचो विस्तार 50 खाटीं मेरेन करूं येता. एनजीओ कडल्यान प्रस्ताव ऑनलायन सादर करूं येतात आनी पात्र प्रकल्पां खातीर अनुदान दिवपाक केंद्र सरकार तयार आसा अशें तांणी सांगलें.

गोंयांतल्या दिव्यांजन कल्याणा संबंदीत प्रस्नांचेरूय रामदास आठवले हांणी भर दिलो. जनगणनेच्या आंकडेवारी प्रमाण गोंयांत सुमार 33 हजार दिव्यांजन आसात, जाल्यार राज्यांत 11 हजारां वयर लावार्थ्यांक पेन्शन मेळटा अशें तांणी सांगलें. सध्या गोंयांत दिव्यांजाना खातीर समर्पीत सरकारी शाळा ना अशें ताणी नदरेक हाडलें. अशी सुविधा

स्थापन करपाक केंद्र राज्याक मजत करपाक तयार आसा अशें तांणी सांगलें. राज्यांतल्या वेगवेगळ्या सक्षम व्यक्तीं खातीर आदार वेवस्था घटमूट करपा खातीर गोंयचो समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळ देसाई हांचे कडेन चर्चा सुरू आसा अशें आठवले हांणी सांगलें.**byte** दिव्यांग

राज्यांतल्या केंद्रीय कल्याणकारी येवजण्यां संबंदीत आंकडेवारी वीशी ताणी म्हायती दीली. मुद्रा रीण येवजणे खाला चार लाखां परस चड लोकांक फायदो जाला आणि आयुष्मान भारता खाला गोंयांतल्या सुमार **29** हजार लावार्थ्यांक मजत मेळ्ळ्या अशेंय आठवले हांणी सांगले.मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाची तांणी तोखणाय करून प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आवाहन केल्ल्या प्रमाण देशी पर्यटन आनी अर्थीक बचतीक आदार दिवचो असो उलो तांणी मारलो .

**<u>Dip</u>** <u>40</u>

कला आनी संस्कृती संचालनालया वतीन फाल्या 21 मे कसांजेच्या 5.00 वराचेर पाटो पणजी हांगा संस्कृती भवनातल्या बहुउद्देशीय सभाघरांत संवसारीक सांस्कृतिक दीस मनयतले. कार्यक्रमात काणकोणची 'गुडुल्या काणी' आनी सत्तरीची 'डोवली मांड' ह्या सारखे परंपरीक लोककला प्रकारांचे सादरीकरण जातले. तशेंच लोकनाच, घुमट वादन अशें कार्यक्रम जातले.

**Dip 230**

गोंय राज्य जैवविवधताय मंडळान जैवविवीधताय, पर्यावरण आनी पर्यावरण संवर्धन मळावयल्या तोखणायेच्या वावरा खातीर 2025 वर्सा खातीर गोंय राज्य जैवविवीधताय संवर्धन पुरस्कारांची घोशणा केली. ह्या वर्सा हे पुरस्कार पाच श्रेणींत भेटयतले.

सर्वोत्तम जैवविवीधताय वेवस्थापन समिती श्रेणींत पार्से-पेडणे जैवविवीधताय वेवस्थापनसमिती आनीनावेली जैवविवीधताय वेवस्थापन समितीक जाल्यार विशेश श्रेणींत वेर्णा बीएमसी, बार्से-केपे बीएमसी, काणा बाणावली बीएमसी आनी शिवोली सडये बीएमसी हांका पुरस्कार जाहीर जाला.

वैयक्तीक श्रेणीत डॉ. बबव इंगोले. दत्ता शंभू नाईक हांका  पुरस्कार जाहीर जाला.

तोखणाय श्रेणींत (वैयक्तीक) चेतन शांताराम तलवार, रोमाल्डिना फर्नांडिस, रोहिदास जी.

कुंकळीकर, फ्रासिस्का गावडे आनी पांडुरंग पाटील हांका पुरस्कार जाहीर जाला.

22 मे दिसा संवसारीक जैवविवीधताय दिसा गोंय राज्य जैवविवीधताय मंडळान  लोक भवन, दोनापावला हांगा आयोजीत कार्यक्रमात पुरस्कार भेटयतले.

स्पोर्ट्स  10

वास्को जिमखाना पगदान १४ वर्सा सकयल्या एक्स्पोजर कप क्रिकेट सर्तीत मडगाव क्रीकेत आकादेमिक १० गडे राखून हारायले.

**Weather – 40**

20 ते २५ मे मजगती राज्यांत विजांच्या गडगडाटा सयत पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. वारे वराक ४५ ते ५५ किलो मिटर मरेन व्हावू येता देखून नुस्तेमार्यानी खोल दर्यात वचचे न्हय

**Announcement – 30**

आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम- ट्रान्सलेटर ह्या पदा खातीर तात्पुरत्या कराराचेर अर्ज मागयता. पदवीधर पीराय **21** ते **50** वर्सां मजगतीं कोंकणी भाशेचें बरें अणकार करपाचें कसब प्रसारणाखातीर योग्य आवाज आसपाक जाय. निमणी तारीख आसा **1** जून